# मिनेझीस ब्रागांझा संस्थे वतीन 1 ऑगस्टाक लोकमान्य टिळक  पुण्यतिथ पाळपात येतली

ता. 29 जुलय  2024

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थे वतीन 1 ऑगस्ट 2024 दिसा सकाळी 11.00 वरां सावन सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय, खांडोळा हांच्या जोड पालवान लोकमान्य टिळक  पुण्यतिथ कार्यावळीचे आयोजन करपात येतले.

नवप्रभाचे संपादक श्री. परेश प्रभू हे कार्यावळीक मुखेल सोयरे आसतले. ह्या वेळार ज्येश्ट पत्रकार श्री. रमेश वंसकर, श्रीमती सुहासीनी प्रभूगांवकर आनी श्री. किशोर शेट मांद्रेकर हांचो सत्कार करपात येतलो.

खांडोळाच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य आनी उप प्राचार्य,  मराठी, कोंकणी, हिंदी आनी इंग्लीश विभागाचें विद्यार्थी कार्यावळीक हजर रावतले. विद्यार्थ्यांक साहित्य आनी पत्रकारीतेच्या मळार उर्बा दिवप हो ह्या  कार्यावळीचो उद्देश आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/343

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.